# <u>उद्देगीक कामगारांखातीर कामगांर कल्याण मंडळाच्यो येवजण्यों</u>

ता. 19 जून 2020

गोंय कामगांर कल्याण मंडळ फाटली कितलीशीच वर्सा सावन गोंयातल्या उद्देगीक कामगारांच्या फायद्याखातीर अनेक कल्याणकारी येवजण्यांची अंमलबजावणी करता. तेप्रमाण 2020-2021 वर्सा खातीरय राज्यातल्या पात्र उद्देगीक कामगारांक ह्या येवजण्यांखाला मदत आनी लाव दिवपाचो मंडळाचो प्रस्ताव आसा.

उद्देगीक कामगार वा कर्मचाऱ्यांच्या शाळेत वचपी भुरग्यांक पुस्तकां, चोपड्यों खरेदी करपा खातीर आर्थिक मदत, पयली ते चौथी मेरेनच्या वर्गात शिकपी भुरग्यांखातीर गणवेशाचो एक जोड पुरवण करपा खातीर आर्थिक मदत, शाळां आनी महाविद्यालयांनी शिकपी भुरग्यांक शिश्यवृत्ती येवजण, मंडळ वा विद्यापीठाच्या निमण्या परीक्षेत घेतिल्ल्या गुणांच्या आदाराचेर आर्थिक मदत येवजण. चली विद्यार्थीनीक शाळां/महाविद्यालयांतल्या हजेरी प्रमाण 5 वी वर्गा सावन फुडल्या खंयच्याय क्षेत्रातल्या शिक्षणामेरेन अर्थिक मदत येवजण. ह्या शिक्षणीक येवजणांचो लाव घेवपा खातीर अर्ज करपाची निमणी तारीख 30 सप्टेंबर 2020 अशी आसा.

तशेंच मंडळावतीन उद्देगीक आस्थापनां, कामगांर कल्याण केंद्रां, क्लब, मनोरंजन केंद्रांक टी. व्ही. संच पुरवण, उद्देगीक कामगार वा कर्मचाऱ्यांखातीर वक्लां खरेदी , बायल कामगारांक जल्मल्ल्या भुरग्याची काळजी घेवपाक प्रसूती तारखेसावन 6 म्हयन्यांची रजा, उद्देगीक कामगार वा कर्मचाऱ्यांखातीर खेळां सर्ती आनी सामाजीक-सांस्कृतीक कार्यक्रम आयोजनाखातीर मदत, सहल वा अभ्यास दौऱ्याखातीर आर्थिक मदत, पाळणाघर सुविधांखातीर मदत, मनोरूग्ण भुरग्यांच्या उपचाराखातीर मदत, गोंय कामगांर निधीतल्यान वाचपघरांखातीर मदत, स्टरिलायजेशना खातीर अतिरिक्त आर्थिक भरपाय, क्षयरोग उपचाराखातीर मदत, कामावयल्यान कमी/कपात केल्ल्या कामगारांक अर्थिक मदत, बेकार आशिल्ल्या कामगारांक अर्थिक मदत, स्त्री सखी येवजणेखाला सॅनीटरी नॅपकीन वेंडिंग मशीन आनी इन्सीनरेटरा खातीर मदत येवजण राबोवपात येता.

शिक्षणीक येवजणांचो लाव घेवपा खातीर कामगार स म्हयन्यांपरस चड काळ सतत सेवेत आसपाक जाय आनी कामगाराचो म्हयन्याचो पगार 20 हजारां वयर आसपाक जायना.

ह्या येवजणांचो लाव घेवपा खातीर उद्देगीक कामगार आनी कर्मचाऱ्यांनी आपल्या मालकांमार्फत सचिव, गोंय कामगांर कल्याण मंडळ, श्रमशक्ती भवन, चौथो माळो, पाटो प्लाझा, पणजी गोंय ह्या नाम्याचेर अर्ज करचे.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/316

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA